०८-०५-२०२६

सकाळी: ८.४०

राश्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो :

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह आयज कोलकातात भाजपाच्या नव्यान वेंचून आयिल्ल्या आमदारां वांगडा बसका घेतले हेवेळार पक्षाच्या विधिमंडळ फुडाऱ्याची निवड जातली.

नवे सरकार स्थापन करपाक कळाव जाल्ल्यान तमिळनाडूची राजकी परिस्थिती अनिश्चीत; सरकार घडोवपा खातीर उलोवणी सुरू.

बदलत्या संवसारीक वेवस्थेत भारत आनी व्हिएतनामाक संवसारीक पुरवण साखळेत म्हत्त्वाची भूमिका वठोवपाची म्हत्त्वपूर्ण संद आसा अशें व्हिएतनामचे राष्ट्राध्यक्ष तो लाम हांणी म्हळा.

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पियुष गोयल हांणी संवसारीक शेतकी मळार भारताची सूवात घटमूट करपाखातीर वेगवेगळ्या उपाययेवजण्यांचो नियाळ घेतलो.

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती जाल्ल्या खेळात, लखनौ सुपर जायंट्स पंगडान रॉयल चॅलेंजर्स बँगलोर पंगडाक ९ धावंड्यांनी हारयले.

Bengal – 130

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह आयज कोलकातात पावतले. थंय ते भाजपाच्या नव्यान वेंचून आयिल्ल्या आमदारां वांगडा बसका घेतले, जंय पक्षाच्या विधिमंडळ फुडाऱ्याची निवड जातली. अस्तंत बंगालचे राज्यपाल आर. एन. रवी हांणी काल थंयच्या विधानसभेचें विसर्जन केलें. राज्याचे नवे मुखेलमंत्री आनी तांचें मंत्रीमंडळ शेनवार, ९ मेक सोपूत घेतले. ह्या दीसा कवीगुरु रवींद्रनाथ टागोर हांची जयंती.

केंद्रीय घर आनी सहकार मंत्री अमित शाह हांच्या अध्यक्षतायेखाला आयज कोलकातात जावपी बसकेंत भारतीय जनता पक्षाच्या विधीमंडळ पक्षाच्या फुडा-याची निवड जातली. भाजपाचे नव्यान वेंचून आयिल्ले सगळे आमदार हेवेळार हाजीर आसतले.

दुसरे वटेन, कोलकातातल्या 'ब्रिगेड परेड ग्रावंडाचेर' जावपी सोपूतविधी सुवाळ्याची तयारी नेटान सुरू आसा. गरजेच्यो प्रशासकी बसका सुरू आसात आनी ह्या सुवाळ्या खातीर कडक सुरक्षा वेवस्था दवरल्या. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह, भाजपाचे जेश्ट फुडारी आनी हेर राज्यांचे मुखेलमंत्री ह्या सोपूतविधी सुवाळ्याक उपस्थित रावतले असो अदमास आसा.

TN - ८०

नवे सरकार स्थापन करपाक कळाव जाल्ल्यान तमिळनाडूची राजकी परिस्थिती अनिश्चीत उरल्या. सरकार घडोवपा खातीर जाय आशिल्ल्या 118 जाग्यांचे भोवमत मेळोवपा खातीर उलोवणी सुरू आसात. काल डीएमके आनी ऑल इंडिया अन्ना डीएमके हांणी आपल्या नव्यान वेंचून आयिल्ल्या आमदारांची बसका घेतली. अखिल भारतीय अण्णा डीएमकेचे सरचिटणीस ई. पलानीस्वामी हांची पक्षाचे विधिमंडळ गट फुडारी म्हूण निवड जाली. राज्यांतल्या सगळ्यांत व्हडल्या पक्षाक तमिझागा वेत्री कझगम (टीव्हीके) हांकां तेंको दिवपाच्या प्रस्नाचेर  आयज 'विदुथलाई चिरुथैगल काची', 'भारतीय कम्युनिस्ट पक्ष' आणि 'भारतीय कम्युनिस्ट पक्ष (मार्क्सवादी)' हांचे नव्यान वेंचून आयिल्ल्या आमदारांची बसका जातली.

भारत त्रिपक्षीय बसका - १२०

विदेश वेव्हार सचिव विक्रम मिस्री हांणी काल अबू धाबीत भारत, फ्रान्स आनी संयुक्त अरब अमिराती हांच्यामदी जाल्ल्या त्रिपक्षीय बसकेत वाटो घेतलो. हे बसकेक संयुक्त अरब अमिरातीच्यो आंतरराष्ट्रीय सहकार राज्यमंत्री रीम अल हाशेमी आनी फ्रान्सचे विदेश वेव्हार महासचिव मार्टिन ब्रायन्स हाजीर आशिल्ले. तीनूंय देशांनी एका निश्चित कालमर्यादेत भागीदारी आनीक घटमूट करपाखातीर एका कृती आराखड्याचेर सहमती उक्तायल्या अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान सांगले. ह्या दौऱ्यावेळार, विक्रम मिस्री हांणी गुंतवणूक सहकार्यासंदर्भात यूएई इन्व्हेस्टमेंट कंपनीचे वेवस्थापकी संचालक आनी मुखेल कार्यकारी अधिकारी हांचीय भेट घेतली. जानेवारी महिन्यात राष्ट्रपती शेख मोहम्मद बिन झायद अल नाहयान हांच्या भारत दौऱ्यात आनी फेब्रुवारी म्हंयन्यात अबू धाबीचे युवराज शेख खालिद बिन मोहम्मद बिन झायद अल नाहयान हांच्या भारत दौ-यात जाल्ल्या प्रगतीचा नियाळ भारत आनी संयुक्त अरब अमिरातीन घेतलो अशें विदेश मंत्रालयान सांगले.

Pm

आतंकवादचो  पराभव करपाक  आनी आतंकवादाक चालना दिवपी  वेवस्था मोडून उडोवपाच्या निर्धाराचेर  देश ठाम आसा अशें प्रधानमंत्री  नरेंद्र मोदी हाणी  म्हळा . 'ऑपरेशन सिंदूरक एक  वर्स पुराय जाल्ल्या निंमतांन  एका सोशल मीडिया पोस्टत ,  मोदी हाणी सांगले, हे मोहिमे वरवीं  भारतीय सशस्त्र दलांनी अतुलनीय शौर्य आनी दृढनिश्चय घडयले. पहलगामत  निष्पाप भारतीयांचेर  हल्लो करप्यांक  सशस्त्र दलांनी फावो ते उत्तर दिले अशेंय तांणी म्हणले pm byte

mandviya

कामगार आणि रोजगार मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया यांनी काल नव्या कामगार कायद्यांतर्गत ४० वर्सा आनी ते परस  चड पिरायेच्या कामगारां खातीर देशव्यापी वर्सूकी भलायकी तपासणी उपक्रमाचो शुभारंभ केलो. हो उपक्रम वेवसायिक भलायकी प्रणाली घटमूट करपाच्या आनी भारताच्या  कामगार वर्गाक सर्वसमावेशक भलायकी सेवा उपलब्ध करून दिवपाच्या दिकेन एक महत्त्वपूर्ण पावल आसा. हे विशी डॉ. मांडविया हांणी म्हळे (By te - डॉ. मनसुख)

तो लाम - १००

बदलत्या संवसारीक वेवस्थेत भारत आनी व्हिएतनामाक संवसारीक पुरवण साखळेत म्हत्वाची भूमिका वठोवपाची म्हत्त्वपूर्ण संद आसा अशें व्हिएतनामचे राष्ट्राध्यक्ष तो लाम हांणी म्हळा. मुंबयत आयोजित भारत-व्हिएतनाम वेवसाय माचेत ते

उलयताले. आदल्या काळात दोनूंय देशांनी परस्पर सहकार्यात खूपश्या आव्हानांक फूडो केलो अशेंय तांणी म्हळे.      भारतीय कंपन्यांक व्हिएतनामात गुंतवणूक करपाचे आवाहन लेगित तांणी हेवेळार केले. व्हिएतनामचे राष्ट्राध्यक्ष म्हणाले की, दोनूंय देशांमदले संबंध हे व्हिएतनामचे माजी राष्ट्राध्यक्ष हो चि मिन्ह आनी भारताचे आदले प्रधानमंत्री जवाहरलाल नेहरू हांच्यासारख्या फुडा-यांच्या दृष्टीकोनाचेर आधारिल्ले आसात. २०१६ पासून हे संबंध एका नव्या उंचायेचेर पावले अशेंय तांणी सांगले.

भारत आनी व्हिएतनाममदले तंत्रगिज्ञान आनी उत्पादन क्षेत्रातले उद्देजक, गुंतवणूकदार आनी व्यावसायिक हे आशियाचो फुडार घडयतले अशें हेवेळार महाराष्ट्राचे मुखेलमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांणी म्हळे.

गोयल - ७०

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पियुष गोयल हांणी संवसारीक शेतकी मळार भारताची सूवात घटमूट करपाखातीर वेगवेगळ्या उपाययेवजण्यांचो नियाळ घेतलो. भारतीय अन्न आनी शेती मंडळाचे अध्यक्ष डॉ.एम.जे.खान हांचे कडेन तांणी बसका घेतली. ह्या बसकेत शेतकऱ्यांची जीण सुधारप, देशाची शेतकी वेवस्था घटमूट करप आनी

आफ्रिकन प्रदेशावांगडा सहकार्य वाडोवप हाचेर चर्चा जाली अशें एका सोशल मीडिया पोस्टमध्ये मंत्री गोयल हांणी सांगले.  दीर्घकाळ अन्न सुरक्षेखातीर शेतकी सहकार्य वाडोवपाच्या नव्या उपाययेवजण्यांचेर लेगित   चर्चा जाली अशेंय तांणी सांगले.

SCINDIA - MAHARASHTRA VISIT - 120

दळणवळण मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया आयज सावन महाराष्ट्राच्या दोन दिसांच्या अधिकृत भोंवडेर आसतले. ह्या भोंवडेंत टपाल विभागा संबंदीत मुखेल कार्यावळीं वांगडाच मुंबई आनी पुण्यांतल्या नामनेच्या शिक्षणिक आनी भौशीक कार्यावळींनी ते वांटो घेतले.

दळणवळण मंत्रालयान दिल्या म्हायती प्रमाण आयज सिंधिया महाराष्ट्राचे मुखेलमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांच्या वांगडा मुंबयतल्या अंधेरी रेल्वे स्थानक उप-टपाल कार्यालयाचें उक्तावण करतले. ही मोहीम नागरिक-केंद्रित टपाल मुळावी सुविधा वाडोवपाच्या आनी गर्दीच्या शारांनी सेवा मेळोवन दिवपाच्या टपाल विभागाच्या सततच्या यत्नांचें दर्शन घडयता.

भोंवड्येच्या दुसऱ्या दिसा, मंत्री पुण्यात डॉ. डी. वाय. पाटील विद्यापीठाच्या दीक्षान्त सुवाळ्याक उपस्थित रावतले. उपरांत सांजे, सिंधिया पुण्यांतल्या पुण्यभूषण पुरस्कार

सुवाळ्याक हाजीर रावतले. हो सुवाळो वेगवेगळ्या क्षेत्रांतल्या खासा योगदाना खातीर नामनेच्या व्यक्तींचो भोवमान करता आनी हो शारांतल्या म्हत्वाच्या भौशीक कार्यावळीं मदलो एक जावन आसा.

IMD - 80

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसां खातीर केरळ, माहे, दक्षिण कर्नाटकचो भितरलो भाग, तामिळनाडू, पुद्दुचेरी आनी कारायकल वाठारांत खूब पावसाचो अदमास उकतायला. हवामान खात्यान सांगलें की आज उत्तर प्रदेश, उदेंत राजस्थान, दर्यादेगेवेलो कर्नाटक आनी रायलसीमा वाठारांत गडगडाटा सयत वीज आनी नेटान वारे मारतले

आयपीएल - १००

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल अटल बिहारी वाजपेयी एकना आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमात जाल्ल्या खेळात, लखनौ सुपर जायंट्स पंगडान रॉयल चॅलेंजर्स बँगलोर पंगडाक ९ धावंड्यांनी हारयले. पावसाची आडखळ आयिल्ल्यान हो खेळ १९ शटकांचो जालो. पयली फलंदाजी करताना लखनऊ सुपर जायंट्स पंगडान १९

षटकांत ३ बाद २०९ धावंड्यो केल्यो. लखनऊ पंगडाच्या मिचेल मार्श हांणे बेसबरो खेळ करताना १११ धावंड्यो केल्यो. डकवर्थ-लुईस नेमांप्रमान आरसीबीक २१३ धावंड्यांचे मोख दिले. उपरांत रॉयल चॅलेंजर्स बँगलोर पंगडाक १९ षटकांत ६ बाद २०३ धावंड्योच करप शक्य जाले. रजत पटीदार हांणे ६१ धावंड्यांचे योगदान दिले.
आयज, दिल्ली कॅपिटल्स, कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडा आड खेळतलो.
हो खेळ दिल्लीतल्या अरुण जेटली स्टेडियमात सांजे ७:३०क जातलो.

Announcement

ही आसा एक कळोवणी आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी 'खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर ,पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं कोंकणी भाशेचें गिन्यान, तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी- इंग्लीश अणकार करपाचें कसब ,प्रसारणाखातीरयोग्य आवाज जाय. अर्ज करपाची निमणी तारीख 17 मे २०२६ आसा.

अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.